**भौशीक सेवा वाहनांनी वाहन लोकेशन ट्रॅकिंग उपकरण बसोवपाचो आदेश**

ता. 8 ऑक्टोबर 2024

येरादारी संचालनालयान सगल्या भौशीक सेवा वाहनांक वाहनाचे लोकेशन ट्रॅकिंग करपी उपकरण आनी एक वा चड एमर्जन्सी बटन बसोवपाचो आदेश दिला. भौशीक सेवा वाहनांचे मालक/ऑपरेटर खंयच्याय विक्रेत्याकडल्यान वाहन लोकेशन ट्रॅकिंग उपकरण आनी एमर्जन्सी बटन खरेदी करपाक शकता, पुण उपकरण आनी बटन एआयएस-140 दर्जाचे आसपाक जाय.

वाहन लोकेशन ट्रॅकिंग उपकरण उत्पादक/ओईएम विक्रेत्यांनी भौशीक सेवा वाहनांनी उपकरण बसोवन वाहन पोर्टलाचेर वाहनाच्या नंबरा सयत उपकरणाची म्हायती अपडेट करची.

उपकरण आनी बटन बसोवपाक आनी दुरूस्त करपाक 30 नोव्हेंबर 2024 मेरेन वेळ दिल्लो आसा आनी उपरांत फिटनेस तपासणीच्या वेळार उपकरण आनी बटनांची तपासणी करपात येतली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/555

--
-----------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.